**महात्मा गांधी जयंती निमतान राज्यपालाचो संदेश**

ता. 1 ऑक्टोबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी महात्मा गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गांधी जयंती हो भारतातलो एक चड म्हत्वाचो कार्यक्रम, जो दर वर्सा 2 ऑक्टोबराक महात्मा गांधी जयंती दिसा मनयतात. राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांकां आर्गां ओपपाक तशेंच तांची मुल्यां, तत्वां आनी तत्वज्ञानाचो उगडास करपा खातीर दर वर्सा उमेदीन हो दीस आमी मनयतात. महात्मा गांधीजीन आपल्या पुराय जीणेत अहिंसेची शिकवण दिली, ते खातीर 2 ऑक्टोबर हो दीस आंतरराष्ट्रीय मळार आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दिस म्हूण लेगीत मनयतात. आमी गांधीजीक बापू म्हूण वळखतात. ते शांतीकाय, अहिंसा आनी सत्याचे प्रतिक जावन आसा, अशें राज्यपाल म्हणटा.

मोहनदास करमचंद गांधी वा महात्मा गांधी हे एक नामनेचे स्वातंत्र्य सैनिक आनी प्रभावशाली राजकीय फुडारी आशिल्लें, जांणी ब्रिटीश सत्तेआडच्या भारतीय स्वातंत्र्य चळवळीत म्हत्वाची भुमिका निभायली. अहिंसा आनी प्रामाणीक वागणूकीचे आचरण करपी नवो समाज निर्माण करप हो तांचो उद्देश आशिल्लो. स्वातंत्र्या खातीर तांणी सत्य आनी अहिंसेच्या मार्गान दिल्लो लढो संवसारांतल्या अनेक फुडाऱ्यांक आपल्या अन्याया आडच्या चळवळी खातीर प्रेरणादाची थारलो. सूत कांतप आनी विणकामातल्यान आत्मनिर्भर आनी उत्कृश्ठ प्रशासनाच्या संकल्पनेक उबारी मेळ्ळी.

राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांका आदरांजली म्हूण 2 ऑक्टोबराक स्वच्छ भारत दीस पाळटात. तांणी पिडीत आनी दुबळ्या घटकांच्या हक्कां खातीर लढो दिलो. तांका भारत अस्पृश्यतायेच्या वायट प्रवृत्तीतल्यान मुक्त जाल्लो जाय आशिल्लें.

महात्मा गांधीजींची जीण आनी तत्वांनी सगल्या वर्गातल्या लोकांक प्रेरणा मेळ्ळी आनी त्या खातीर सगल्या लोकांनी महात्मा गांधीजींच्या तत्वांचे आचरण करपाची गरज आसा, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा/सप/ / विगां/ 2024/ 535

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.